# PAPER-III
# KONKANI

**Signature and Name of Invigilator**

1. (Signature) __________________________
   (Name) ____________________________
2. (Signature) __________________________
   (Name) ____________________________

OMR Sheet No. : ............................................
(To be filled by the Candidate)

Roll No. | | | | | | | | |
(In figures as per admission card)

Roll No.________________________________
(In words)

**J 8 5 1 2**

Time : **$2\,^{1}/_{2}$** hours] [Maximum Marks : **150**

Number of Pages in this Booklet : **12** | Number of Questions in this Booklet : **75**

## Instructions for the Candidates

1. Write your roll number in the space provided on the top of this page.
2. This paper consists of seventy five multiple-choice type of questions.
3. At the commencement of examination, the question booklet will be given to you. In the first 5 minutes, you are requested to open the booklet and compulsorily examine it as below :
   (i) To have access to the Question Booklet, tear off the paper seal on the edge of this cover page. Do not accept a booklet without sticker-seal and do not accept an open booklet.
   (ii) **Tally the number of pages and number of questions in the booklet with the information printed on the cover page. Faulty booklets due to pages/questions missing or duplicate or not in serial order or any other discrepancy should be got replaced immediately by a correct booklet from the invigilator within the period of 5 minutes. Afterwards, neither the Question Booklet will be replaced nor any extra time will be given.**
   (iii) After this verification is over, the OMR Sheet Number should be entered on this Test Booklet.
4. Each item has four alternative responses marked (A), (B), (C) and (D). You have to darken the circle as indicated below on the correct response against each item.
   **Example :** Ⓐ Ⓑ ● Ⓓ
   where (C) is the correct response.
5. Your responses to the items are to be indicated in the **OMR Sheet given inside the Booklet only.** If you mark at any place other than in the circle in the OMR Sheet, it will not be evaluated.
6. Read instructions given inside carefully.
7. Rough Work is to be done in the end of this booklet.
8. If you write your Name, Roll Number, Phone Number or put any mark on any part of the OMR Sheet, except for the space allotted for the relevant entries, which may disclose your identity, or use abusive language or employ any other unfair means, you will render yourself liable to disqualification.
9. You have to return the test question booklet and Original OMR Sheet to the invigilators at the end of the examination compulsorily and must not carry it with you outside the Examination Hall. You are, however, allowed to carry duplicate copy of OMR Sheet on conclusion of examination.
10. **Use only Blue/Black Ball point pen.**
11. **Use of any calculator or log table etc., is prohibited.**
12. **There is no negative marks for incorrect answers.**

## परीक्षार्थियों के लिए निर्देश

1. पहले पृष्ठ के ऊपर नियत स्थान पर अपना रोल नम्बर लिखिए ।
2. इस प्रश्न-पत्र में पचहत्तर बहुविकल्पीय प्रश्न हैं ।
3. परीक्षा प्रारम्भ होने पर, प्रश्न-पुस्तिका आपको दे दी जायेगी । पहले पाँच मिनट आपको प्रश्न-पुस्तिका खोलने तथा उसकी निम्नलिखित जाँच के लिए दिये जायेंगे, जिसकी जाँच आपको अवश्य करनी है :
   (i) प्रश्न-पुस्तिका खोलने के लिए उसके कवर पेज पर लगी कागज की सील को फाड़ लें । खुली हुई या बिना स्टीकर-सील की पुस्तिका स्वीकार न करें ।
   (ii) **कवर पृष्ठ पर छपे निर्देशानुसार प्रश्न-पुस्तिका के पृष्ठ तथा प्रश्नों की संख्या को अच्छी तरह चैक कर लें कि ये पूरे हैं । दोषपूर्ण पुस्तिका जिनमें पृष्ठ/प्रश्न कम हों या दुबारा आ गये हों या सीरियल में न हों अर्थात् किसी भी प्रकार की त्रुटिपूर्ण पुस्तिका स्वीकार न करें तथा उसी समय उसे लौटाकर उसके स्थान पर दूसरी सही प्रश्न-पुस्तिका ले लें । इसके लिए आपको पाँच मिनट दिये जायेंगे । उसके बाद न तो आपकी प्रश्न-पुस्तिका वापस ली जायेगी और न ही आपको अतिरिक्त समय दिया जायेगा ।**
   (iii) इस जाँच के बाद OMR पत्रक की क्रम संख्या इस प्रश्न-पुस्तिका पर अंकित कर दें ।
4. प्रत्येक प्रश्न के लिए चार उत्तर विकल्प (A), (B), (C) तथा (D) दिये गये हैं । आपको सही उत्तर के वृत्त को पेन से भरकर काला करना है जैसा कि नीचे दिखाया गया है ।
   **उदाहरण :** Ⓐ Ⓑ ● Ⓓ
   जबकि (C) सही उत्तर है ।
5. प्रश्नों के उत्तर **केवल प्रश्न पुस्तिका के अन्दर दिये गये OMR पत्रक पर ही** अंकित करने हैं । यदि आप OMR पत्रक पर दिये गये वृत्त के अलावा किसी अन्य स्थान पर उत्तर चिह्नांकित करते हैं, तो उसका मूल्यांकन नहीं होगा ।
6. अन्दर दिये गये निर्देशों को ध्यानपूर्वक पढ़ें ।
7. कच्चा काम (Rough Work) इस पुस्तिका के अन्तिम पृष्ठ पर करें ।
8. यदि आप OMR पत्रक पर नियत स्थान के अलावा अपना नाम, रोल नम्बर, फोन नम्बर या कोई भी ऐसा चिह्न जिससे आपकी पहचान हो सके, अंकित करते हैं अथवा अभद्र भाषा का प्रयोग करते हैं, या कोई अन्य अनुचित साधन का प्रयोग करते हैं, तो परीक्षा के लिये अयोग्य घोषित किये जा सकते हैं ।
9. आपको परीक्षा समाप्त होने पर प्रश्न-पुस्तिका एवं मूल OMR पत्रक निरीक्षक महोदय को लौटाना आवश्यक है और परीक्षा समाप्ति के बाद उसे अपने साथ परीक्षा भवन से बाहर न लेकर जायें । हालांकि आप परीक्षा समाप्ति पर OMR पत्रक की डुप्लीकेट प्रति अपने साथ ले जा सकते हैं ।
10. **केवल नीले/काले बाल प्वाईंट पेन का ही इस्तेमाल करें ।**
11. **किसी भी प्रकार का संगणक (कैलकुलेटर) या लाग टेबल आदि का प्रयोग वर्जित है ।**
12. **गलत उत्तरों के लिए कोई अंक काटे नहीं जाएँगे ।**

# कोंकणी

## प्रश्नपत्र – III

**सुचोवणी :** (i) ह्या प्रस्नपत्रांत **वट्ट पाऊणशे (75)** भौपर्यायी जापेचे प्रस्न आसात.
(ii) सगळ्या प्रस्नांच्यो जापो बरोंवच्यो.
(iii) दर एका प्रस्नांचे सारके जापेक **दोन (2)** गूण दवरल्यात.
(iv) दर एका प्रस्नाची जाप ताचे सकयल दिलल्या A, B, C, D ह्या चार अक्षरांतल्या फावो त्या अक्षराचेर कुरु करुन दिंवची.

**1.** 'दोन थेंबे दुखां' ह्या मूळ कन्नड लिपयेंतल्या पुस्तकाचें लिप्यंतरण हांचेभितरल्या कोणे केलां ?
(A) गोकुळदास प्रभु
(B) यशवन्त पालेकार
(C) प्रताप नायक
(D) जे.बी. सिक्वेरा

**2.** सकयलें वाक्य पुराय करपाक फावो तो पर्याय वेंचात.
वाचप्यांक गिन्याना वांगडा धादोसकाय केन्ना मेळटा
(A) जेन्ना भाशेच्या गिरेस्तकायेसांगातान आकर्शक शैलीचो हात धरून मेजको आटाप आनी चिंतनशील विश्लेशण आसता.
(B) जेन्ना आलंकारिक भाशे सांगातान विशयाचो विस्तारान परिचय करुन दिल्लो आसता.
(C) आकर्शक शैली आनी आकर्शक देखी दिवन विशय गूढ तायेन समजायिल्लो आसता.
(D) चडांत चड निर्दोशपणान तांतूतलो आशय प्रतिक आनी प्रतिमांच्या आदारान मांडिल्लो आसता.

**3.** 'सौमित्र' आनी 'इंद्रकर' हीं टोपण नांवां कोणालीं ?
(A) लक्ष्मण सरदेसाय आनी बाकीबाब बोरकार.
(B) लक्ष्मण सरदेसाय आनी रविन्द्र केळेकार.
(C) बाकीबाब बोरकार आनी उदय भेंब्रे.
(D) उदय भेंब्रे आनी नागेश करमली.

**4.** मुद्रणाचे कलेसांगातान पुस्तकांचे सुचयांचेय मुद्रण सुरु जालें तें वर्स खंयचें ?
(A) इ.स. १४९९
(B) इ.स. १५५६
(C) इ.स. १४९४
(D) इ.स. १६२६

**5.** 'झंप्या मास्तराचां आत्मचरित्र' हे कथेचो बरोवपी हांतलो कोण ?
(A) दामोदर मावजो
(B) वसन्त भगवन्त सावन्त
(C) गजानन जोग
(D) अरुण सिंगबाळ

**6.** पा. थॉमस स्टीफन्सान बरयलेल्या कोंकणी व्याकरणाचे प्रस्तावनेंत ताणें आपणे तें कवी आनी पुराणकाराच्या उपेगाखातीर बरयतां अशें म्हटलें कित्याक
(A) पोर्तुगीजांच्या राजवटींत गोंयातल्या देवळा वांगडाच थंयचे कोंकणी ग्रंथय जळून गेल्ले पा. थॉमस स्टीफन्सान पळयल्ले आसूंक जाय.
(B) गोंयात आयिल्ल्या मिशनरींक कोंकणीतल्यान काव्यरचना करपाची उमळशीक आशिल्ली अशें ताका दिसलां आसूंक जाय.
(C) गोंयतले पंडीत तेन्ना मराठींतल्यान पुराणां आनी म्हाकाव्याचें वाचन मनन करताले.
(D) पोर्तुगीज राजवटींतल्या सत्ताधाऱ्यांचें कोंकणी भाशेकडे पळोवपाचें धोरण सारकें नाशिल्लें.

7. कोंकणीक लिखित परंपरा आशिल्ली हाचो पुरावो दिवपी हांतलो कोण ?
(A) आंजेलुस माफे
(B) एच्. व्हान. रीड्स
(C) जुजे जर्सन द कुञ्य
(D) मो. दाल्गाद

8. कोंकणीच्या साहित्यिक अभ्यासा सांगातान तिचे हेर मोडींचो, थळ वेवसाय आनी जातीप्रमाण अभ्यास कोणे केलो ?
(A) डॉ. घाटगे
(B) डॉ. ना.गो. कालेलकार
(C) डॉ. सु.मं. कत्रे
(D) डॉ. जुझे पेरैरा

9. इ.स. १९६१ चे जनगणनेंत भारतांतल्या कोंकणी भाशकांचो आंकडो कितलो सांगला ?
(A) १३ लक्ष ७१ हजार
(B) १४ लक्ष ५२ हजार
(C) १७ लक्ष ६० हजार
(D) १२ लक्ष ७१ हजार

10. राष्ट्रीय दूरदर्शनाचेर पयली कोंकणी कार्यावळ खंयचे तारकेक वितरित जाली ?
(A) १६ जानेवारी १९७५
(B) ३१ ऑगस्ट १९७८
(C) १८ जून १९६६
(D) १९ डिसेंबर १९६३

11. कवितेच्यो वळी आनी कवी हांच्यो जोडयो लायात.

अ. वारें आतां वादळ जावन
पान पान हालयता
जिविताचो रुख म्हजो
मुळासकट उबयता

ब. निळ्या निळ्या मळबाचेर
सुकण्यांची गो रांगोळी
नखेत्रांच्यो पेटल्यो पणट्यो
मळबांगणांत दिवाळी

क. उरलां किदें ? उगडास
फकत कोडसाणीचे !
आनी दोळ्यांत दुकां
बुड्डगोल जिणेचें !

ड. मनाच्या पाणयांत
कालयले रंग.
पालेल्ल्या हाडांक फुटले
अभंग.

च. जे.बी. मोराइश
छ. माधव बोरकार
ज. ऑलिविन्यु गॉमिश
झ. माया खरंगटे
ण. नूतन साखरदांडे

| | अ | ब | क | ड |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ज | ण | च | झ |
| (B) | ण | झ | च | छ |
| (C) | ण | छ | च | झ |
| (D) | झ | ण | छ | ज |

12. 'विकास म्हारग पडटलो जगाक' हें वाक्य सकयल दिलल्या खंयच्या निबंद झेल्या तलें आसा ?
(A) 'फुलां आनी फोगोट्यो'
(B) 'ओंवळां'
(C) 'मनमोतयां'
(D) 'ओथांबे'

13. सकयल दिलल्यो कवितेच्यो वळी हांतल्या खंयच्या कवीचे कवितेतल्यो आसात ?

"मळबाचें प्रेम हांवें
नितळ
मनान
घेतलें जिखून"

(A) बयाभाव
(B) अभिजित
(C) र.वि. पण्डित
(D) पाण्डुरंग भान्गी

14. 'लोकांकाणी ह्या लोकवेद प्रकाराचें उगम-थळ भारत आसून भारतांतल्यानच हो प्रकार संसार भर पावलो' हो सिद्धान्त कोणे मांडलो ?
(A) थिओडर बेनफे
(B) कॉस्कीन
(C) डॉ. के.डी. उपाध्याय
(D) डॉ. विंटरनिट्झ

15. "न्यायाचो ध्यास आनी सत्याची आस ही शशांकाच्या व्यक्तिमत्वांत दिसतालीं तीं तितल्याच उगतेपणान ह्या एकांकीनी दें‌विल्लीं दिसतात." अशें शशांक सितारामाच्या एकांकीविशीं कोणे म्हळां ?
(A) मनोहरराय सरदेसाय
(B) नारायण भास्कर देसाय
(C) पुंडलीक नारायण नायक
(D) कमलाकर म्हाळशी

16. मोंसिन्योर सेबिश्तेयांव रोदोल्फ दाल्गाद हांणी आपणालो दुसरो पोर्तुगेज-कोंकणी शब्दकोश खंयच्या वर्सा उजवाडायलो ?
(A) इ.स. १९२१
(B) इ.स. १८८९
(C) इ.स. १९०५
(D) इ.स. १८९३

**17.** कवी आनी तांचे कविता झेले हांच्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| अ. | परेश नरेंद्र कामत | ट. | उजवाडाची पावलां |
| ब. | मनोराय नायक | ठ. | गांठी |
| क. | प्रकाश पाडगांवकार | ड. | निरंजन |
| ख. | राम प्रभु चोडणेकार | ढ. | अळंग |
| | | ण. | कल्पफूल |

| | अ | ब | क | ख |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ढ | ण | ट | ड |
| (B) | ट | ड | ढ | ण |
| (C) | ठ | ड | ण | ढ |
| (D) | ड | ठ | ट | ण |

**18.** पुंडलीक नारायण नायक हांच्या 'देमान्द' ह्या नाटकाचें मूळ नांव किदें आशिल्ले ?

(A) सुरींग (B) वसंतोत्सव
(C) दायज (D) बंदी

**19.** बरोवपी आनी समिक्षेच्या पुस्तकांच्यो फावो त्यो जोडयो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | रिपब्लिक | ५. | लोंजाइनस |
| २. | पोएटिक्स | ६. | अरिस्टॉटल |
| ३. | पेरिइप्सुस | ७. | प्लेटो |
| ४. | इस्थेटिक | ८. | बेनेदेतो क्रोचे |
| | | ९. | हेगेल |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ५ | ७ | ८ | ९ |
| (B) | ६ | ७ | ९ | ५ |
| (C) | ७ | ६ | ५ | ८ |
| (D) | ५ | ६ | ७ | ९ |

**20.** हो उतारो खंयच्या पुस्तकांतलो तें सांगात.

- "दुलबा जेझू, तुज्या गुणासारीके म्हजे बरीं उपकार करशी म्होणू, विसवासी तुज्ये आधारीं आयलां, तुज्या कणीबाळा नेत्रांची नदर मजेवरी करी गा स्वामया आनी मजो संभाळू करुंच्याक तुज्या डोळ्यां सरिशें हात जांव दी".

(A) दोत्रीन क्रिस्तां
(B) सांतु आंतोनीची अचर्या
(C) देवाची एकांग्र बोलणीं
(D) देक्लारासांव द दौत्रीन क्रिस्तां

**21.** हांतलें खंयचें वाक्य हयकारी आसा तें सांगात.

(A) तांका मेकळेपणान हें समजून घेवंक नाका.
(B) तूं हांगा कित्याक आयला ?
(C) तुमीं किद्याचे किदें करुं नाकात.
(D) दर मनशाची जीण नितळ आसची.

**22.** हांतली व्यंजन संधीची बरोबर जोडी खंयची ?

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | देवीच्छा | ५. | गणेश |
| २. | निश्चल | ६. | महेश |
| ३. | उषःकाल | ७. | निश्फळ |
| ४. | जगन्नाथ | ८. | संतोश |
| | | ९. | तेजोमय |

(A) एक आनी आठ
(B) दोन आनी सात
(C) तीन आनी पांच
(D) चार आनी आठ.

**23.** इ.स. २०१२ तली २८वीं अखिल भारतीय कोंकणी परिशद खंयच्या शारांत घडोवन हाडली ?

(A) मंगळूर (B) मुंबय
(C) बेळगांव (D) उडुपि

**24.** सकयल दिल्ले खंयचे विधान चूक आसा ?

(A) संवसारातल्यो साबार भासो एकाच वेळा लिपीबद्ध जाल्यो.
(B) संवसारातल्यो साबार भासो एकाच वेळा लिपीबद्ध जाल्यो नात.
(C) कांय भासो एकेच लिपयेंत बरयतात.
(D) संवसारातल्यो कांय भासो एका परस चड लिपयांनी बरयतात.

**25.** तियात्र आनी बरोवप्यांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | समाज सेवा | ५. | ॲण्टनी परेरा |
| २. | मोग आसूं दी | ६. | विजय पै खोत |
| ३. | शिकोप | ७. | तोमाझीन कार्दोज |
| ४. | कायदो | ८. | बॉस्को मिनेझिस |
| | | ९. | श्याम सावंत |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ७ | ५ | ८ | ६ |
| (B) | ५ | ६ | ७ | ९ |
| (C) | ६ | ७ | ८ | ९ |
| (D) | ९ | ७ | ८ | ६ |

26. सकयल दिलल्या विधानाफाटलें योग्य कारण वेंचात.

२०११ वर्सा गोंयात 'भारतीय भाशा सुरक्षा मंचाची थापणूक' -

(A) शिक्षण मंडळाच्या नव्या संचालकांच्या धोरणाक लागून जाली.

(B) राज्य सरकाराच्या प्राथमिक पांवड्याच्या माध्यम धोरणाक लागून जाली.

(C) अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेन कोंकणीचो वावर करपाखातीर केली.

(D) कोंकणीची चळवळ मुखार व्हरपाक तरणाटे मुखार सरचे देखून जाली.

27. 'अर्थ-घटक भासां भासां प्रमाण बदलनात, ते सर्वभाशीक तत्त्वां भितर आसपावतात.' हो विचार मुखार कोणे हाडलो ?

(A) नार्थम् फ्राय

(B) ब्लूम फिल्ड

(C) नोम च्यॉम्स्की

(D) फेर्दिनां द सोस्यूर

28. खलिल जिब्रानाच्या साहित्यकृती वेल्यान बाकीबाब बोरकार हांणी खंयचें पुस्तक रचलां ?

(A) पैगंबर

(B) तुंटिल्लीं पांखां

(C) गोमती

(D) सपन वासवदत्ता

29. फावो तो पर्याय वेंचून काडून वाक्य पूर्ण करात.

सोळाव्या शेंकड्यातल्या रामायणाच्या हातबरपांत -

(A) ठांयीं ठांयीं पुर्तुगेज उतरां मेळटात.

(B) कांयच पुर्तुगेज उतरां मेळनात.

(C) संस्कृत उतरां भरसून पुर्तुगेजीक कोंकणीची सया मारता.

(D) देशी आनी अपभ्रंशी भारतीय भासो मेळटात.

30. सकयल दिल्ल्या सिद्धान्तांच्यो जोड्यो फावो त्या विद्वानांच्या नावाकडेन लायात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | सौंदर्यम् अलंकारः | ५. | विश्वनाथ |
| २. | वक्रोक्ति जीवितम् | ६. | आनंदवर्धन |
| ३. | वाक्यं रसात्मकं काव्यम् | ७. | वामन |
| ४. | काव्यस्यात्मा ध्वनिः | ८. | कुंतक |
| | | ९. | भरतमुनी |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ६ | ३ | ८ | ५ |
| (B) | ८ | ६ | ७ | ९ |
| (C) | ७ | ८ | ५ | ६ |
| (D) | ९ | ८ | ५ | ७ |

31. भाशीक नादांचो भाशेचे बांदावळीचे नदरेंतल्यान अभ्यास करपी व्याकरणाक कितें म्हणटात ?

(A) अर्थविज्ञान (B) नादविज्ञान

(C) वाक्य-विचार (D) स्वनीम-विचार

32. गोंयांत सत्तरी आनी सांगें तालुक्यांत 'रणमाले' ह्या लोकनाट्यांत कोणाची कथा सादर करतात ?

(A) रामायणाची कथा सादर करतात.

(B) कृष्णाची कथा सादर करतात.

(C) परशुरामाची कथा सादर करतात.

(D) रणांत झुजपी विष्णुची कथा सादर करतात.

33. सकयली वाक्यां कोण कोणाक म्हणटा तें वळखून तांच्या फाव त्या जोडयांचो पर्याय वेंचून काडात.

| | |
|---|---|
| १. आनी चलैयतलो कोण तर तें ? | ५. माधव उत्तमाक म्हणटा. |
| २. थुमेकाल ! थुमेकाल ! भिकुदाद म्हणून आमी ! | ६. म्हाळूबाब शरदाक म्हणटा. |
| ३. दोतोर रागार जायना जाल्यार एक विचारतलों म्हणटा. हें लेत्र कसलें ? | ७.जानकी बाळूक म्हणटा. |
| ४. तें जालें ! परंत पैशे खैं पावल्यात म्हगेले ? | ८.वेंकुशणै म्हाळूबाबाक म्हणटा. |
| | ९.भिकुदाद जानकीक म्हणटा. |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ६ | ९ | ६ | ७ |
| (B) | ७ | ५ | ९ | ६ |
| (C) | ६ | ७ | ८ | ५ |
| (D) | ७ | ९ | ५ | ६ |

**34.** अव्ययांचे प्रकार वळखून फावो तो जोड्यो लायात.

१. संबंदी अव्यय ५. हांका, तांका
२. जोड अव्यय ६. वा ! शाबास, आ रे रे !
३. उमाली अव्यय ७. म्हजे पसत, ताचे वांगडा.
४. क्रिया विशेशण अव्यय ८. फाल्यां, खूब
९. आनी, पूण

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ७ | ९ | ६ | ८ |
| (B) | ८ | ५ | ७ | ८ |
| (C) | ८ | ६ | ७ | ५ |
| (D) | ९ | ९ | ६ | ८ |

**35.** व्याख्या आनी समास हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

१. समासांतलें पयलें उतर जायते फावट अव्यय आसता ५. द्विगु समास
२. ह्या समासांतलें पयलें पद संख्या विशेशण आसता. ६. बहुव्रीहि समास
३. ह्या समासांत खंयचेच पद मुखेल आसना आनी समासिक उतरांचो अर्थ वेगळो जाता. ७. अव्ययीभाव समास
४. ह्या समासांत दोनूय उतरां पयले विभक्तींत आसतात. ८. कर्मधारय समास
९. तत्पुरुष समास

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ६ | ७ | ८ | ९ |
| (B) | ७ | ५ | ६ | ८ |
| (C) | ७ | ५ | ६ | ६ |
| (D) | ९ | ५ | ७ | ८ |

**36.** सकयल्या कडव्यांतली निमणी वळ खंयची ?

फुलां जाय, वोत जाय
पावसाची प्रीत जाय.
घरांत आनी भाटांत म्हज्या

(A) कुदळीचो मंत्र जाय.
(B) कवळे वेंगेत मोग जाय.
(C) मेकळो शितळ वाव जाय.
(D) दसणीचें तांबडे गुंज रगत जाय.

**37.** कोंकणीची प्रमाण बोली म्हुण अंत्रुजी बोली मुखार सरता हाचें कारण

(A) थंय रविंद्र केळेकारासारके ज्ञानपीठ पुरस्कार फावो जाल्ले साहित्यिक रावतात.
(B) भुगोलिक रचना, गिरेस्त साहित्य निर्मणी आनी बाकीबाब बोरकारांसारकेले कवी हांगा जाल्यात.
(C) गोंयचे चडशे हिंदु भाव आनी तांची देव देवता थंयच आसात.
(D) शणै गोंय बाबांनी आपले बरपावळींत हेच अंत्रुजी मोडीचो वापर केला.

**38.** पयलें कोंकणी नाटक असो उल्लेख हांतल्या खंयच्या नाट्य कृती संबंदान करतात ?

(A) तुळशीचें लग्न
(B) पोवनांचें तपलें
(C) ताची करामत
(D) निमित्ताक कारण

**39.** सकयल दिलल्यो कवितेच्यो वळी बरोवपी कवी हांतलो कोण ?

"– आता म्हजो उजवाडू
तुज्या ब्रह्मांडाक वेडू
आनी तरीकूय उरूं
धा आंगळांनी –"

(A) शंकर रामाणी
(B) रमेश वेळुस्कार
(C) सु.म. तडकोडकार
(D) एतिएन दला क्रुवा

**40.** माधव बोरकार हांच्या पयल्या कविता झेल्याचें नांव आनी उजवाडणेचें वर्स हांतलें खंयचें ?

(A) चंवर, इ.स. १९६९
(B) उजवाडाचो रुख, इ.स. १९६२
(C) पर्जळाचें दार - इ.स. १९८०
(D) यमन - इ.स. २०००

**41.** शब्दकोश आनी तांचे संकलक हांच्यो फावो त्यो जोड्यो वेंचात.

| | | | |
|---|---|---|---|
| १. | भुरग्यांखातीर पयलो पोर्तुगीज – कोंकणी शब्दकोश | ५. | राफायल पेश्चेती |
| २. | पयलो छापिल्लो पोर्तुगीज – कोंकणी शब्दकोश | ६. | सिमांव आल्वारिश |
| ३. | पांच भासांचो शब्दकोश | ७. | दियेगु रिबैरु |
| ४. | तीन भासांचो शब्दकोश | ८. | डी.एफ. एक्स. डायस |
| | | ९. | मारियो पावल होमेन |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ९ | ५ | ८ | ६ |
| (B) | ९ | ६ | ४ | ८ |
| (C) | ८ | ७ | ६ | ९ |
| (D) | ५ | ७ | ८ | ९ |

**42.** सकयल्या विधानांतली खंयची विधानां बरोबर ते सांगात.

अ. त्रासदी (tragedy) म्हळ्यार दृश्य काव्य.

ब. महाकाव्य हें नाट्य-काव्य आसता.

क. त्रासदी हें दृश्य आनी श्राव्य काव्य जावन आसा.

ड. महाकाव्याची शैली सदांच नाट्यात्मक आसता.

(A) अ आनी ब

(B) ब आनी क

(C) अ आनी क

(D) ब आनी ड

**43.** तियात्राच्या लोकप्रियतेक ३०-४० वर्सा उप्रांत सुकती आयली कित्याक तर

(A) थोडे अशिक्षित मनीस पचपचीत तियाय दाखोवंन हेरांची तासम्पट्टी करपाक लागले.

(B) तियात्र पळोवपाक मुंबयतंले कोणूच सुशिक्षित येना जाले.

(C) तियात्राच्यो जायत्यो कंपन्यो तयार जालल्यान लोकांक खंय वचचें हाचो गोंदळ जावपाक लागलो.

(D) पाय तियात्रिश्त जुआंव आगुश्तीन फैर्नांदीश ह्या संवसाराक अंतरले.

**44.** हांतली खंयची नवलकाणी रोमी लिपयेंत बरयल्या ?

(A) भिरांकूळ रात

(B) आनंदमठ

(C) गोमती

(D) लव स्टोरी

**45.** ‘दों किशोत’ आनी ‘कांदीद’ ही पुस्तकां खंयच्या मूळ भाशांतल्यान कोंकणीत अणकारित जाल्यात ?

(A) फ्रेंच आनी पोर्तुगीज भाशेंतल्यान.

(B) फ्रेंच आनी स्पॅनिश भाशेंतल्यान.

(C) स्पॅनिश आनी पोर्तुगीज भाशेंतल्यान.

(D) स्पॅनिश आनी लॅटीन भाशेंतल्यान.

**46.** हांतलें खंयचें पुस्तक समीक्षणात्मक साहित्यांत आस्पावना ?

(A) कोंकणी भाशेचो इतिहास

(B) साहित्य-सुवाद

(C) कथा-शिल्प

(D) आस्वादन

**47.** “....... म्हा-व्हड झुजाऱ्यांनी पांडवांच्या काळार केलल्यो किर्तीभरीत करण्यो रणा-मळार,
या कांय राय-कुळमेच्यांक आसच्यो खंती, आकांत
सिता-रामान भोगल्या बरी दंडक वनांत .......”

ह्यो पद्य वळी हांतल्या खंयच्या कवीच्या काव्यांतल्यो आसात ?

(A) एव आनी मरी – ऑलिविन्यु गोमिश

(B) गोड्डे रामायण – संत नायकस्वामी

(C) पाशांवाचें गीत – जुझे ब्रन द सोझ

(D) आब्रांवाचें यज्ञदान – लुवीस मास्कारेन्हस

**48.** साहित्यांत काव्यातले सूचकतायेक आनंदवर्धनान कितें म्हुण पाचारला ?

(A) वक्रोक्ति

(B) ध्वनि

(C) अलंकार

(D) औचित्य

**49.** कोंकणी भाशा मंडळाचो केन्नाच अध्यक्ष नाशिल्लो मनीस हांतलो कोण ?

(A) मनोहरराय सरदेसाय

(B) लक्ष्मणराय सरदेसाय

(C) प्रशान्त नायक

(D) राजू नायक

**50.** 'काड' आनी 'खाड' ही उतरां-जोडी 'क्' आनी 'ख्' ह्या स्वनांची कसले तरेची मांडावळ दाखयता ?

(A) बंदी

(B) पूरक

(C) विरोधी

(D) मेकळी

**51.** सकयल्या विधानांतली खंयची विधानां बरोबर आसात ?

अ. कोंकणी अस्मिताय प्रतिष्ठान हे संस्थेन बालनाट्य चळवळ वाडीक लायली.

आ. 'बालमंच' हे येवजणेखाल स नव्या बरयल्या बालनाट्याचो महोत्सव २००५ वर्सा कोंकणी अकादमीन घडोवन हाडलो.

इ. कोंकणी प्रजेचो आवाज म्हळ्यार गोंयच्या लोकांचो आवाज.

ई. ओपिनियन पोलाचे दिसाकच अस्मिताय दीस मानतात.

(A) अ आनी ई

(B) आ आनी ई

(C) अ आनी इ

(D) इ आनी ई

**52.** सकयल्या कथांच्या प्रकाशनाचो योग्य क्रम खंयचो ?

(A) वशाड, चंद्रकोर, वर्सल, काजरफळ, म्हाबळी.

(B) वशाड, म्हाबळी, काजरफळ, वर्सल, चंद्रकोर

(C) म्हाबळी, काजरफळ, चंद्रकोर, वर्सल, वशाड

(D) म्हाबळी, चंद्रकोर, काजरफळ, वर्सल, वशाड

**53.** 'काजी नजरुल इस्लाम' आनी 'नानालाल' ह्या चरित्रात्मक पुस्तकांचो अणकार खंयचे संस्थेन उजवाडायला ?

(A) कोंकणी भाशा मंडळ

(B) साहित्य अकादमी

(C) नैशनल बुक ट्रस्ट

(D) थॉमस स्टीफन्स कोंकणी केंद्र

**54.** सकयल दिलल्या म्हणींचो आनी तांच्या अर्थांचो योग्य तो पर्याय वेंचात.

१. चण्या झाडार चडपाक निसणी लागनात.

२. आपली फाट आपणाक दिसना.

३. नडीचें वचत, बडीचें वचना.

४. हातच्या कांकणाक हारसो कित्याक ?

५. दरेकाक आपले दोश दिसनात.

६. दोळ्यांनी पळयल्यार उतरांनी सांगपाची गरज नासता.

७. दुस्मानाक बडयेन धांवडावंक जाता.

८. सोपें काम करपाक चड तयारी लागना.

९. परंपरेन आयिल्ले दोश पैस जांवक शकतातपुण जल्मजात सभाव बदलप कठीण.

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ९ | ८ | ७ | ६ |
| (B) | ५ | ७ | ९ | ६ |
| (C) | ८ | ५ | ९ | ६ |
| (D) | ८ | ७ | ५ | ६ |

**55.** सकयल दिलल्या अणकारित रचनांचो मूळ बरोवपी कोण ताची फावो तो जोडी सांगात.

(A) लावां-भुतां – शाम वेरेकार, वणटी-विनोबा भावे, गीता-प्रवचनां – रवींद्रनाथ ठाकुर, दोळ्यांतुले किशोर – हेनरिक इब्सेन.

(B) लावां-भुतां – हेनरिक इब्सेन, वणटी – वायकोम महम्मद बशीर; गीता-प्रवचनां – विनोबा भावे, दोळ्यांतुले किशोर – रवींद्रनाथ ठाकुर

(C) लावां-भुतां – रवींद्रनाथ ठाकुर, वणटी – हेनरिक इब्सेन, गीता-प्रवचनां – विनोबा भावे, दोळ्यांतुले किशोर – वायकोम महम्मद बशीर

(D) लावां-भुतां – वायकोम महम्मद बशीर, वणटी – रवींद्रनाथ ठाकुर, गीता-प्रवचनां – विनोबा भावे, दोळ्यांतुले किशोर – हेनरिक इब्सेन

**56.** हांतूतल्या खंयच्या पुस्तकाक गोंयच्या राज्य साहित्य संस्कृती संचलनालयाचो पुरस्कार २००९ त फावो जाला ?

(A) अ कन्साइज हिस्टरी ऑफ रोमन कोंकणी लिटरेचर

(B) कोंकणी पत्रिकोद्यमाचो पयलो वांटो 'जागरण'

(C) वज्रघात

(D) क्ष समिक्षेंतलो

**57.** नंदिनी डिकॉस्टा हांची साहित्यकृती हांतली खंयची ?

(A) मोगाची महिमा

(B) रुसणें तुजें

(C) आकांत

(D) नितीदार

**58.** Syntaxis Copiossima ह्या पुस्तकाचो बरोवपी कोण ?

(A) इनाजियु आर्कामोनी

(B) गाश्पार द सा मिगेल

(C) दियोगु रिबैरु

(D) आंद्रे वाझ

**59.** उतरांक पयलीं कूस लागता ताका

(A) प्रत्यय म्हणटात

(B) उपसर्ग म्हणटात

(C) विशेशण म्हणटात

(D) कारक संबंध म्हणटात

**60.** अर्थाच्यो कितल्यो तरा आसात ?

(A) सात

(B) णव

(C) तीन

(D) पांच

**61.** शशांक सितारामाल्या एकांकी बरपांतलीं पात्रां आनी एकांकीचे माथाळे हांच्यो जोड्यो लायात.

| | |
|---|---|
| १. सुप्रिया, प्रसाद | ५. सर्त |
| २. पावणेकार, काका | ६. अस्तित्व |
| ३. बायल, कलाकार | ७. प्रस्न |
| ४. ज्ञानेश, वसुधा | ८. सर्त |
| | ९. प्रस्न |

| | १ | २ | ३ | ४ |
|---|---|---|---|---|
| (A) | ६ | ७ | ५ | ६ |
| (B) | ७ | ६ | ५ | ६ |
| (C) | ९ | ७ | ६ | ५ |
| (D) | ८ | ५ | ६ | ७ |

**62.** सकयल दिल्ल्या कथांतलीं पात्रां आनी तांचे माथाळे तशेंच बरोवपी हांच्यो फावो त्यो जोड्यो लायात.

| | | |
|---|---|---|
| १. सुर्याजी शणै | ५. आंगवण | १०. गोकुळदास प्रभु |
| २. कायतान | ६. आराट्ट | ११. दामोदर मावजो |
| ३. रामचंद्र | ७. वितराग | १२. महाबळेश्वर सैल |
| ४. पावलीन | ८. घरपुरुस | १३. ऑलिविन्यु गोमिश |
| | ९. व्हंकल | १४. शांताराम हेदो |
| | | १५. पुंडलिक नायक |

(A) १-८-१४ २-९-११ ३-६-१० ४-७-१२

(B) २-८-१५ ३-६-१२ ४-५-११ १-७-१३

(C) ३-५-११ २-७-१२ १-६-१३ ४-७-१०

(D) ४-५-११ ३-७-१२ २-९-१४ १-८-१२

**63.** कोंकणीत नाकये स्वर आनी व्यंजनां कशेरीतीन दाखयतात ?

(A) नाकया व्यंजनान.

(B) अक्षरांचेर रफार दिवन

(C) अक्षरांसकयल कुरु करुन

(D) बरपांतल्या अनुस्वारान

**64.** 'फुल्ले आयज दोळयांतले ब्रह्म लक्ष लक्ष जल्म उजवले' ही वळ खंयच्या कविता झेल्यांतली ?

(A) ब्रह्मकमळ

(B) यमन

(C) दिस्टावो

(D) एक कृष्ण कळी

**65.** सकयल्या समासीक उतरांतलो द्विगु समास खंयचो ?

(A) चंद्रमुख

(B) नवरात्र

(C) घरदार

(D) निर्धन

**66.** बया भाव हांगेल्या दुसऱ्या काव्य झेल्याचे नांव हांतले खंयचें ?

(A) सुकृत-फळां

(B) सड्यावेलीं फुलां

(C) जोरगत

(D) सांवर

**67.** 'पारजत' ह्या सदरांतल्यान उजवाडून येवपी लेखमाळेच्या निबंदझेल्याचो माथाळो हांतलो खंयचो ?

(A) पावस-फुलां

(B) पारजत फुलां

(C) पारिजातक

(D) ओथांबे

**68.** 'म्हज्यो एकावन कविता' ह्या अटलबिहारी वाजपेयी हांच्या कविता झेल्याचो कोंकणीत अणकार कोणे केला ?

(A) प्रकाश पाडगांवकार

(B) माधव बोरकार

(C) प्रभाकर शेजवलकार

(D) मुकेश थळी

**69.** 'विश्वाची उत्पत्ती' हें अरुण हेबळेकाराचें पुस्तक खंयच्या विशयाचेर आदारुन बरयलां ?

(A) भुगोल विशयाचेर

(B) खगोल शास्त्राचेर

(C) भूगर्भ शास्त्राचेर

(D) समुद्र विज्ञानाचेर

**70.** हेमा नायक हांणी मराठींतल्यान कोंकणीत अणकारित केलल्या एका गोंयच्या सपुतान बरयल्ल्ये आपजीणेचें नाव हांतलें खंयचे ?

(A) ताठ कणो

(B) आमोरेर

(C) गोपुरांच्या देशांत

(D) कलिकथा व्हाया बायपास

हो उतारो वाचून सकयल दिल्या प्रश्नांच्यो जापो बरोंवच्यो.

गणपती दूद पियेता हे खबरेन पुराय देश ढवळून गेललो आनी खबरांपत्रांनी भडकपणान तेविशींच्यो खबरो उजवाडावंक सुखात केल्ली. विदेशांत लेगीत खंय दूदप्राशन जाल्लें ! एकेवटेन अंधश्रद्धेच्या नांवान भौसाक खेपप आनी दुसरेवटेन असले खबरेक आकांताची पानांचीं पानां भरून प्रसिद्धी दिवप हो पत्रकारितेंतलो केदो विरोधाभास ! तेच फाटभुंयेर, सगळें वातावरण आस्तिकताय, नास्तिकताय, श्रद्धा, अश्रद्धा, अध्यात्म, प्रागतिक विचार असल्या साबार विचारांनी तापिल्लें आसतना म्हजेर हो प्रश्न आप टिल्लो. विचारप्यान तो वयले वयर विचारिल्लो. पूण प्रस्नान म्हज्यांतलें चिंतनांचें झंझावात खुबळावन घालें. आनी हांव अस्वस्थ जावन उमळशिकेन म्हजेखातीर ताची जाप सोदूंक लागलों.

श्रद्धेविशींच म्हाका श्रद्धा आसा. विश्वास ही केदी पवित्र भावना ! आयच्या कलियुगांत स्वताचोच स्वतावेलो विश्वास आदी उडूंक लागला ही लजेची गजाल. जिविताविशींची आस्तिकाय आनी भावार्त उबून वचूंक लागला. मागीर ते सर्वशक्तिमान शक्तिविशींचो विश्वास सोडूच !

कोण म्हणटा, देवळां उकतीं करात. कोण आड्डता, देवळां उकतीं करात. कोण आड्डता, देवळां फकत आमचीं, कोण सांगता देवळां भौसाचीं, तांचेर थोड्याच लोकांची मक्तेदारी उरूंक फावना ...... हाडामांसा-रगताचीं ही चलतीं-घोळपी सोबीत देवळां.

तांकां कितेंय करूं, म्हजे सरभोंवतणी केदोय बोवाळ आसूं, म्हाका शांतपणान म्हज्या काळजाच्या देवळांत देवं दी. ह्या चांचाळांत लेगीत म्हाका म्हजे अंतस्कर्णाचे गर्भकुडींतले शांततायेंत रावं दी. हे गर्भकुडींत भितर सरपाक जानवें घालचें पडना, जोतीं काडचीं पडनात. म्हजे गर्भकुडिचो हांवूच पुजारी. उजवाती, आरती, गंध-फुलां, जपमाळ, श्लोक, स्तोत्र, दिव्यांचो वा हेर कसलोच झगझग थंय लागना. ह्या देवळांत भितर सरपाक जाय फकत जिविता-विशींचे प्रेम, जिविता विशींचो विश्वास; येदी व्हडली शक्त म्हाका निर्मून पोसता, म्हजो श्वास चलयता ते शक्ती प्रती समर्पित भावना !

**71.** 'विदेशांत लेगीत दूदप्राशन जाल्लें !' ह्या वाक्याचो बरोबर अर्थ खंयचो ?
(A) विदेशांत लेगीत गणपती दूदप्राशन करताले.
(B) विदेशांत लेगीत लोक गणपतीक दूदाचो नैवेद्य दारवोवपाक लागले.
(C) विदेशांत लेगीत दुदांक म्हत्व दिवपाक लागले.
(D) विदेशांत लेगीत गणपतीच्या दूदप्राशनांच्या खबरांचो प्रसार जाल्लो.

**72.** उताऱ्यांक फावो तो माथाळो दियात.
(A) गणपती आनी खबरो
(B) समाजीक आस्तिकताय
(C) अंधश्रद्धेचो लोकांचेर प्रभाव
(D) बरोवप्याचे गणपतीविशीं विचार

**73.** सर्वशक्तिमान म्हळ्यार कोण ?
(A) गणपती
(B) बरोवपी
(C) ईश्वर
(D) भक्त

**74.** गर्भकुडींत भितर सरपाक कित्याची गरज आसता ?
(A) जानव्याची
(B) आरती आनी प्रसाद, गंधफुलां
(C) जिविता विशींचे प्रेम आनी विश्वास
(D) शांततायेची

**75.** बरोवप्याची श्रद्धा कित्याचेर आसा ?
(A) भक्तीचेर
(B) आपगाचेरच
(C) जिविताचेर
(D) श्रद्धेचेर

**Space For Rough Work**